**धारबांदोडा तालुक्याच्या विकासाखातीर सरकार कटीबद्द आसा-मुख्यमंत्री**

ता. 20 ऑगस्ट 2021

धारबांदोडा तालुक्याच्या विकासाखातीर सरकार कटीबद्द आसून तालुक्याच्या वाठारांनी विकास प्रकल्प आनी येवजणांची अंमलबजावणी करपाची प्रक्रिया सरकारान सुरू केल्ली आसा. तालुक्याची शिक्षणीक मळार उदरगत करपा खातीर शिक्षणीक संस्था स्थापन करपाचो सरकाराचो विचार आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज धारबांदोडा हांगा हुंवार पिडितांक लुकसाण भरपाय मंजूरी पत्रां भेटोवपाच्या कार्यक्रमात उलयताना सांगले.

फुडें उलयताना डॉ. सावंत हांणी धारबांदोडा तालुक्याच्या विकासाखातीर वेगवेगळे प्रकल्प सुरू करपाचे उतर दिवन वाठारांतल्या खण पिडित लोकांक मदत करपाक सरकार बांदिल आशिल्ल्याचेय तांणी सांगले.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्याहस्तुकीं धारबांदोडा तालुक्यातल्या विंगड विंगड शाळांतल्या गुणवान विद्यार्थ्यांचो गौरव जालो. सरकारान तालुक्यातल्या ४३ हुंवार पिडितांक लुकसाण भरपाय मंजूरी पत्रां भेटयली.

कोवीडाच्या म्हामारीक लागून मरण आयिल्ल्या व्यक्तिच्या कुटुंबांक अर्थिक मदत दिवपी गोंय हे पयले राज्य आसून सरकारान दोन लाख रूपयांची मदत दिल्या. तशेंच सरकारान पारंपारिक वेवसायिकांक मदत करपा खातीर सानुग्रह मदत येवजण सुरू केल्या आनी पाच हजार रूपयांचो आदार दिला, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

भौशीक बांदकाममंत्री श्री. दिपक पाऊसकर हांणी डॉ. सावंत सरकाराच्या प्रगतीची तोखणाय करून स्वयंपुर्ण गोंय येवजणेची अंमलबजावणी करून राज्याचो सर्वांगीण विकास करपात येतलो, अशें सांगलें.

राज्यसभा खासदार श्री. विनय तेंडुळकर, एनआरआय आयुक्त एड. नरेंद्र सावयकार, आदले आमदार श्री. गणेश गांवकार, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री. अजित पंचवाडकर, दक्षीण गोंय जिल्हा पंचायत अध्यक्ष श्रीमती सुवर्णा तेंडुळकर आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक हाजिर आशिल्ले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/717

--

Issued by Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji